24th March 2026 7.25am

प्रसाद - 125

फोंडा विधानसभा पोटवेंचणूके खातीर उमेदवारी दाखल करपाच्या निमाण्या दिसा काल सोमारा भाजपाचे उमेदवार रितेश नायक, काँग्रेसीचे उमेदवार डॉ. केतन भाटीकर आनी आम आदमी पक्षाचे उमेदवार गीतेश नायक, ह्या उमेदवारानि आपले उमेदवारी अर्ज दाखल केले. ह्या वेळार भाजपा आनी काँग्रेसीचे कार्यकर्ते हाजिर आशिल्ले. रितेश नायक हाणी भाजपा कडल्यान उमेदवारी अर्ज दाखल करतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावत, भाजपाचे प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, वीज मंत्री सुधीन धवलीकर, उदका संसाधन मंत्री सुभाष शिरोडकर, मंत्री दिगंबर कामत, आमदार गोविद गावडे आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

आपाचे उमेदवार गितेश नायक हाचे उमेदवारी दाखल करतना आमदार वैजी विएगाश, आमदार क्रूझ सिल्वा हाजीर आशिल्ले.

कॉग्रेसीचो उमेदवार डॉ. केतन भाटीकर हाने उमेदवारी दाखल करतना, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, आमदार कार्लोस फेरेरा, एल्टन डिकोस्टा, एम. के शेख आनी हेर काँग्रेस फुडारी हाजिर अशिलले.

Ganesh – 160

नॉन रेवेन्यू उदकाचे प्रमाण 40 टक्यावेल्यान 20 टक्याचेर हाडपा सयत उदकाच्या नाशाडीचेर नियंत्रण दवरपाची पेयजल खात्याची मोख आसा. एनआरडब्लूचे प्रमाण 40 टक्यावेल्यान 20 टक्याचेर हाडल्यार 100 कोटींची येणावळ खात्याक मेळटली, अशें पेयजल खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी सांगलें. ते पणजेत संवसारीक उदक दिसाच्या कार्यावळीत उलयतालें.

संवसारीक उदक दिसा निमताना सोमारा भौशीक बांदकाम खात्याच्या कार्यालयात खासा कार्यावळ जाली. हे निमतान पेयजल खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाय मुखेल सोयरे आशिल्ले. भौशीक बांदकाम खात्याचे प्रधान मुखेल अभियंते संदीप प्रभू

चोडणेकार, पेयजल खात्याचे मुखेल अभियंते विश्वंबर भेंडे, गिऱ्हायक चळवळीचे रोलँड मार्टिन्स हाजीर आशिल्ले.

राज्याक 700 एमएलडी उदकाची गरज आसा. खात्यातर्फे 630 एमएलडी उदकाची पुरवण जाता. सध्या 70 एमएलडी उदकाचो उणाव आसा. गोंयच्या लोकसंख्येचो विचार केलो जाल्यार 500 ते 550 एमएलडी उदक पावपाक शकता.

उदकाची गळटी तशेच चोरी बंद करपा खातीर खात्यान खासा यंत्रणेची वेवस्था करपाक जाय. तशेच उदकाचो योग्य तरेन वापर करपा खातीर लोकांमदी जागृताय करपाक जाय, अशी मागणी गिरायक हक्क मंचाचे रोलँड मार्टिन्स हांणी केली.

हे वेळार बरी कामगिरी करपी खात्याच्या तंत्रीक कर्मचाऱ्यांचो भोवमान जालो.

DIP – 70

फोंडें विधानसभा पोटवेंचणुके खातीर भारतीय वेंचणूक आयोगान पुजा पार्थ, हांची सर्वसामान्य निरीक्षक म्हूण नेमणूक केल्या. वेंचणूके संबंदी कसलेय प्रस्न आसल्यार ते सोडोवपा खातीर निरिक्षक सर्वसामान्य जनता, राजकीय पक्षांचे प्रतिनिधी आनी उमेदवारां खातीर सोमार आनी बिरेस्तार दिसा सकाळी 11.00 ते दनपारां 1.00 वरा मेरेन कोर्ट रूम, अतिरिक्त जिल्होधिकारी-3, दुसरो माळो, सरकारी इमारत प्रकल्प, तिस्क-फोंडें हांगा उपलब्ध आसतले. वेंचणूके संबंदी कसलेय kasli सुचोवणी आसल्यार निरिक्षकाक मेळचे वा तांचे कडेन संपर्क करचो.

लोहिया 80

नामनेचे फुडारी डॉ. राममनोहर लोहिया हांची एकशे सोळावी जयंती काल मडगावा लोहिया मैदानार 18 जून क्रांती दीस समितीन मनयली. ह्या वेळार भौशीक बादकाम मंत्री, आदले मुख्यमंत्री आनी मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हाणी फुलाहार ओपलो. हाचे उपराप्त आमदार दिगंबर कामत हांच्या हसतुकी गोवा स्वातंत्र झुजारी संघाच्या कार्यालयात डॉ. राम मनोहर लोहिया, डॉ. जुलियाव मेनेझेस, लक्ष्मीदास के बोरकार आनी वसप्त व्ही. मळयो ह्या चार नामनेच्या स्वातंत्र झुजाऱ्याच्या छायाचित्राचे

अनावरण केले. दिगंबर कामत हाणी डॉ राम मनोहर लोहिया ह्याचे विशीं आपले विचार मांडले.

Weather – 50

पणजेत kal चडांत चड तापमान 33.5°C जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 24.4°C इतले नोंद जाला. मोरमुगाव चडांत चड तापमान 33°C जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 23.6°C इतले नोंद जाला.

Sports – 30

गोंय क्रिकेट संघटणेन आयोजीत केल्ल्या गोवा प्रिमियर विभाग लीगाच्या उक्तावण फेरयेंतल्यो तिनूय मॅची बरोबरींत सोंपल्यो. पूण, जिनो स्पोर्ट्स क्लब, पणजी जिमखाना, साळगांवकार क्रिकेट क्लब हांणी पयल्या डावांतल्या आघाडीच्या आदाराचेर म्हत्वाचे गूण मेळयले.